# छायाचित्रकार श्री. प्रभाकर शिरोडकर हांचो सत्कार

ता. 31 जानेवारी 2018
11 माघ 1939

गोंय ज्येश्ठ पत्रकार संघटनेन आपल्या 8 व्या वर्धापन दीस कार्यक्रमात नामनेचे फोटो पत्रकार श्री. प्रभाकर महादेव शिरोडकर हांका संघटनेचो आजीवन पुरस्कार भेटोवन तांचो सत्कार केलो.

दोनापावला हांगा शिरोडकर हांच्या घरात जाल्ल्या कार्यक्रमात म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री.टी.एस.सावंत हांचे हस्तुकी शाल, श्रीफळ, मानचिन्ह आनी प्रशस्तीपत्र भेटोवन श्री. शिरोडकर हांचो सत्कार केलो.

हयावेळार उलयताना श्री.टी.एस.सावंत हांणी श्री. शिरोडकर हांणी फोटो पत्रकार म्हुण पत्रकारितेच्या मळार केल्ल्या योगदानाची प्रशंसा करून श्री.शिरोडकरासारखे व्यक्तीमत्व नव्या पिढीच्या फोटो पत्रकारांखातीर जीणेचो मार्ग दाखोवपी आशिल्ल्याचे सांगले.

सुरवेक गोंय ज्येश्ठ पत्रकार संघटनेचे अध्यक्ष श्री. प्रमोद खांडेपारकर हांणी श्री. शिरोडकर हांची उपस्थितांक वळख करून दितना श्री. शिरोडकर हांचे फोटो पत्रकारितेचे योगदान मोलादीक आसून युवा पिढीन तांच्या कार्यापासून प्रेरणा घेवपाची गरज आसा. श्री.शिरोडकर हांच्या संग्रहात सैमाची वेगवेगळी रूपां, फुलपाखे आनी मनीस जीणेवयल्या छायाचित्रांचो खजिनो आसा, अशेंय तांणी सांगले.

कार्यक्रमाक संघटनेचे उपाध्यक्ष श्री. आर.व्ही.प्रभूगांवकर, खजिदार श्री.सी.एम.आरावजो, अंबाजी कामत, श्री. शिरोडकर हांच्या कुटुंबातले वांगडी श्री. विश्वास हळदणकर, संगीता हळदणकर, हर्षा झा आनी मंगला प्रभाकर शिरोडकर हजर आशिल्ल्यो.

संघटनेचे सचिव श्री. सिरील डिकुन्हा हांणी निमणे उपकार मानले.